# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री.भगतसिंग कोश्यारी हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक मनाकाळजासांवन ह्नदह्नीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी हो दिव्यांचो उत्सव जात-पात वा धर्म भेदभाव करीनासतना देशभर व्हडा उमेदीन आनी मौज-मजेन मनोवपात येता. आमच्या देशाच्या अफाट आनी विविधतायेच्या सामाजिक आनी सांस्कृतिक फाटभूंयेर दिव्यांचो विलक्षण देखावो आनी उजवाड आमका अज्ञान, असत्य, घमेंड आनी स्वार्थिपणाचो काळोख पयस करून आमचे काळीज गिन्यान, सत्य, नम्रताय आनी मानवता सेवेच्या सकारात्मक विचारांनी प्रकाशीत जावपाक मदत करता. त्याच बरोबर हो ईश्वरी उत्सव आमची एकता आनी अखंडतायेची भावना मजबूत करता.

दिवाळीचो हो भव्य उत्सव ह्या सोबीत राज्यांतल्या लोकांच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/681